# <u>उत्कृश्ट सहकारी संस्थां पुरस्कारांखातीर अर्ज मागयल्यात</u>

ता. 1 मार्च 2024

राष्ट्रीय सहकारी विकास म्हामंडळावतीन प्रत्येक राज्य आनी संघप्रदेशांतल्या उत्कृश्ट सहकारी संस्थांक पुरस्कार भेटोवपात येता. उत्कृश्ट मुळावी सहकारी संस्था, उत्कृश्ट पतपुरवण सहकारी संस्था, उत्कृश्ट महिला सहकारी संस्था आनी हेर वर्गात पुरस्कार दितात. 2022-23 वर्साच्या पुरस्कारा खातीर उत्कृश्ट सहकारी संस्थांची निवड करपा खातीर सहकारी संस्था निबंधकाच्या कार्यालयान राज्य निवड समिती नियुक्त केल्या.

विहित अर्ज/नामांकनां सहकारी संस्था निबंधकाचे कार्यालय, सहकार संकुल, पाटो-पणजी तशेंच पणजी, म्हापशें, फोंडें, मडगांव, केपें आनी दिवचलच्या सहाय्यक सहकार निबंधकाच्या कार्यालयांनी उपलब्ध आसात. पुराय भरील्ले अर्ज संबंदीत विभागीय कार्यालयांनी 5 मार्च 2024 सांजेच्या 5.00 वरांमेरेन सुपूर्द करपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/145

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.